28 April 2026 6.30pm

## 70 सिक्किम

सिक्किमांत जोडणी आनी मुळावी बांदावळ सुदारपाक सरकारान सगळ्यांत चड प्राधान्य दिलां अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें. प्रधानमंत्री सिक्किम राज्याच्या 50व्या statehood कार्यावलीन उलयताले . तांणी सिक्किम हें उदेंतेचें स्वर्ग अशें वर्णन केलें. प्रधानमंत्र्यानी सिक्किम राज्याच्या पर्यटनाची उफाट ताक सांगताना ,थळव्या लोकांच्या फायद्या खातीर ह्यो संदी पुरायपणान विकसीत करपाची केंद्राची वचनबद्धताय परतून अधोरेखित केली.. सेंद्रीय आनी सैमीक शेतींत सिक्किमाक मेळिल्लें यश पुराय देशाखातीर आदर्श थारला अशेंय तांणी सांगले .

## अश्विनी वैष्णव 80

म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी आंध्र प्रदेशाचे मुखेलमंत्री एन. एन. चंद्रबाबू नायडू हांचा संयत , आज विशाखापट्टणम हागा गूगल क्लाउड इंडिया ए आय हब चो बुनियादी फातर बसयलो . ह्या निमतान मेळाव्यांक संबोधीत करतना केंद्रीय मंत्री वैष्णव हांणी सांगलें, देश व्हड प्रमाणांत इलॅक्ट्रॉनिक्स उत्पादन, अर्दवायू उत्पादन, प्रगत चिप डिझायन, आनी कृत्रिम बुद्धिमत्ता तंत्रगिन्यानाच्या मळार मुखार वता. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या मेक इन इंडिया दृश्टीकोना खाला भारत एक विस्वासपात्र जागतीक इलॅक्ट्रॉनिक्स उत्पादन भागीदार म्हूण नेटान उदेता अशें तांणी सांगलें.

## गडकरी 90

रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी सांगलां की भारतान आपल्या नागरिकांक सुरक्षीत, आनी सोयीस्कर प्रवास अणभव दिवपा खातीर आपली येरादारी वेवस्था जागतीक दर्जा प्रमाण तयार करची पडटली.आयज नवी दिल्लींत बसवॉर्ड इंडिया कॉन्क्लेव्ह 2026 , कार्यावलिक ते संबोधीत करतले., देशांतल्या येरादारी वाठाराचे लक्ष आतां फकत खर्चा मेरेन मर्यादीत ना, पूण दर्जेदार आनी सोयीचे वटेन मुखार सरला. देशभरांतल्या उच्च दर्ज्याच्या म्हामार्गांच्या विकासाक लागून प्रवास वेळ खूब उणो जाला आनी जोडणी सुदारल्या अशें तांणी नदरेक हाडलें.वेगान, सुरक्षीत

आनी पर्यावरणाक टिकावू येरादारी वाडोवपा खातीर देशभरांत 36 ग्रीन एक्सप्रेस म्हामार्ग तयार करतात अशी म्हायती तानी दिली

धर्मेंद्र प्रधान 60

शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हांणी आयज नॅशनल काउन्सिल ऑफ एज्युकेशनल रिसर्च अँड ट्रेनिंग (एन सी ई आर टी) हांणी चालू आशिल्ल्या शिक्षणीक सत्रा खातीर उजवाडायल्ल्या पाठ्यपुस्तकांची उपलब्धताय, छापणावळ, आनी वितरण हांचो नियाळ घेतलो.तशेंच राज्य आनी केंद्रीय प्रदेशांतल्या स्टॉक स्थितीचोय नियाळ मंत्री प्रधान हांणी घेतलो. तशेच राज्य अधिकाऱ्यां कडेन आनी वितरण एजन्सी कडेन समन्वयाची तपासणी करून , , खास करून गांवगिऱ्या वाठारांतल्या विद्यार्थ्यांक पुस्तकां वेळार पावोवपाची खात्री केल्या .

मंत्री मनसुख

कार्यबळांत बायलांचो समान वांटो ही समाजीक आनी अर्थीक गरज आसा अशें कामगार आनी रोजगार मंत्री मनसुख मांडवीया हाणी सांगला . विकसीत भारत उबारपाक बायलांक सशक्त करप हें केंद्रस्थान आसा अशें तांणी संगलें .आयज नवी दिल्लींत एका कार्यावळीक संबोधीत करतना डॉ मंडवीया हाणी सांगलें, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला नव्या कामगार संहिते वरवीं गिग आनी प्लॅटफॉर्म कामगारांक पयलेच खेपे औपचारीक वळख मेळ्ळ्या. हें इतिहासीक पावल तांकां घटमूट समाजीक सुरक्षा जाळ्या खाला हाडून तांचो अर्थीक फुडार सुरक्षीत करता ,अशें तांणी म्हटला .

कळवणी

100 आकाशवाणी पणजी केंद्राचा खबरा विभागा वरवी ‘कॅज्युअल, न्यूज रीडर-कम-ट्रान्सलेटर पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात.उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें.पीराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं आसची. अर्ज करपाक निमणी तारीख आसा 17 मे २०२६ आसा . कोंकणी भाशेचें गिन्यान , तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब आसचें.प्रसारणाखातीर आवाज योग्य आसपाक जाय.इत्सूक उमेदवारांनी आपलो अर्ज ‘हेड ऑफ आर एन यू, आकाशवाणी पणजी, आल्तिन्हो, पणजी , गोवा - 403001 हांगा सादर करचो. अधिक

म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर व rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.

## 50 हवामान

वाढत्या तापमानापासून कामगारांच्या संरक्षणखातीर सरकारान देशव्यापी उष्णतेच्या लाटेची शित्कावणी दिल्या. वाडत वचपी तापमान आनी उशणताय ल्हारांचो प्रतिकूल परिणामां पासून कामगार आनी मजुरांक राखण दिवपा खातीर सरकारान राज्य आनी केंद्रशासित प्रदेशांक पत्रा जरी केल्यात . कामगारांक सुरक्षेचे उपाय बेगोबेग चालीक लावपा खातीर , उद्देग आनी बांदकाम कंपनींक गरजेच्यो दिका दिवपाचो सल्ल्यो राज्यांक दिल्या.